वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय

कोंब नडगांव गोंय

पयली सत्र परिक्षा ऑक्टोबर २०२५

यत्ता: अकरावी | विशय: कोंकणी | वेळ: 3 वरां

तारीख: 09|10|2025 | गूण: 80

सुचवण्यो:

1. दरेका प्रश्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
2. प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगळे प्रश्न सक्तीचे आसात .
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.
5. प्रश्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 ह्या प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. आदल्या तेपार लोक रातची नाखटां कित्याक काप नाशिल्ले? 1

2. प्रेमान आनी दुर्गान कसलें धाडस केलें? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातीनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. खऱ्यानीच तूं आता.........जाला 2
आतां तुज्या ........ हात
भोंवडायिल्लो तुका आवडना
( केंसारूव ,व्हडलो , फाटीरूव , ल्हान )

4. देशाच्या........, व्हांवयतात 2
हांगा आपलो ........
( घाम,रगत, गांवाचेर, नांवाचेर )

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| क | | ख | |
|---|---|---|---|
| (i) | बुध्दिबळ | . चंद्रकांत केणी | 1 |
| (ii) | पिज्ञानाची फळां | . खूब बुध्द लडोयप | 1 |
| (iii) | अणभव | . सोमू राव | 1 |
| | | . मोबायल,लेपटॉप | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयात:

6. आवय देवा परसूय म्हान अशें कवी कित्याक म्हणटा? 3

वा

आवय आनी पुतामदीं जें भावनीक अंतर निर्माण जाता तें 'पासवर्ड' कवितेच्या आदारान स्पश्ट करात.

7. भारता विशी लोकांक मोग आनी अभिमान आसा म्हणपाचे कित्यावयल्यान कळटा? 3

वा

'सूर मेळना सूर जुळना' ही वळ कोंक्रिटाच्या रानांत हया कवितेच्या आदारान स्पश्ट करात.

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयातः 4

8. पयशे हातांत पडटकच येशान कशे खर्च केले?

वा

ल्हानपणांत खेळटाले त्या खेळांतल्यान भुरग्यांक कसले शिक्षण मेळटाले?

9. गिराणा दिसाचें आमचे अज्ञान कशें तरेन दिसता? 4

वा

प्रियाक घरच्यांचो राग कित्याक येता?

सकयल दिल्ल्या पद्यांशांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. जंय सगळे आमी एक आनी
कोणूच ना गुलाम
असल्या म्हज्या देशाक
म्हजो परतून परतून सलाम

वा

हया रानांत
झाडां नात पेडां नात
सावणी नात सावदां नात
हांगा रावतात नुजावर,डिसौजा
सिंग ,कामत ,नायक ,गावडे नांवाचे
साबार माक्न मानव

सकयल दिल्ल्या विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. " हेंका सगळयांक म्हाज्या खुरसार च्या दी आनी एकेक काकण"

वा

' कांयच अमंगळ जावचें ना म्हजे लोक मंगळार वचपाचे तयारेक लागल्यात.'

## विभाग ब (व्याकरण)

सकयल दिल्ली वाक्यां कंसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12. आवय बापायक पूत नाका तर ? . (हयकारी करात) 1

13. आमचेर कसलेंय संकश्ट आयलें जाल्यार तातूतल्यान कशेंय भायर सर. ( प्रस्नार्थी करात) 1

14. कोपर्निकसाच्या हया (सोद) लागून जगाचो पुराय केंद्र बिंदूच बदल्लो. 1
(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात )

15. बाबुलीन मोन्यांनी कोलती काडून ताच्या हातांत दिली . (भविश्यकाळांत करात ) 1

वा

मागीरच पट्टात त्यो गजाली करशात ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16. जयान आपले चलयेक नदर लागता म्हूण पायांक काळो दोरो बांदलो 1

17. सीमाचो आवय बापूय भायर पडल्या उपरांत ताणें भावाची जबाबदारी आपणावेर घेतली. 1

( तकालस घेवप , जापसालदारकी घेवप , आड्डूंक लागप, दिश्ट लागप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात.

18. लोळके 1

19. दुरीत 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. वेसन 1

21. अभ्यास 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. मोल 1

23. शाणो 1

24. सोबीत 1

सकयल दिल्ल्या ओपारीचो अर्थ बरयात.

25. काडली जीब लायली ताळयाक 1

26. आयत्या बिळांत नागोबा 1

27. दांतूय म्हजे,ओंठूय म्हजे 1

या

उदकाच्या बळार सुंगट उडटा

सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातींनी घालून ओळी पुराय करून बरयात. 4

28. न्हंयचे दिकेन गेल्ल्या मनशांचो आवाज ताका आयकूंक______ . अस्पश्ट जायत तो येना जालो.. वाठोभर एक भयांकृत शंडाय _______ .वाऱ्यान झाडाचीं पानां सळसळीं जाल्यार लेगीत सगली जाणां आंग ______ .कस्तुऱ्याच्या पोटांत कळो येवंक लागल्यो.. दोनूय हातांनी पोट दामून धरून तें न्हिदून ______.

( रावप , येवप , काडप , नासप, पातळप )

29. 'वेळाचे म्हत्व' ह्या विशयाचेर आवय/चलो हांची मदीं जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. कलामंदीर उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'घुमट आरती सर्त' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपोवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

साहित्य म्हळयार जीणेचें पडबिंब,सुख,दुख,मोग,राग,भंय आनी धिटाय हांचे एक खतखतें.हें सगळे मनशान काळजांत अणभवलें आनी बुध्दीच्या कसाचेर आपल्या उतरांनी उक्तायल्ल्या उतरांत उच्चारात एकाद्रे वस्तूचें आनी परिस्थितीचे चित्र आयकतल्यांमूखार उबें करपाचे बळ जेन्ना मनशाक आयलें तेन्ना साहित्य हें तोंडातल्यान सांगपाचे आनी कानांनी आयकूपाचे एक कवन जालें. लोक कथा आनी लोकगितां आयकून याद धरून सांगपाची कला मनशान केळयली आनी तें दायज चलयले. पूण 'श्रुती आनी स्मृती' म्हळयार आयकून याद दवरिल्ले साहित्य, काळाच्या काळखांत सदाच तगून उरता हें मनशान अणभवलें देखून ताणे उच्चारांची प्रतिकां सोदून काडलीं ताका लिपी म्हणटात. लिपीचो विकास जातकच एक- एक अक्षर जोडून एक- एक भावविश्व आमी उबें करूंक पावले. अशें विश्व जे विसरायेच्या काळखांत पूसून वचना,जे अ-क्षर उरता, ताका अक्षर साहित्य अशें म्हणूंक लागले. अक्षर साहित्य म्हळयार बरोवन दवरिल्लें साहित्य.

**प्रस्नः**

31. साहित्य म्हळयार कितें? 1
32. साहित्य हें तोंडात सांगपाचे आनी कानानी आयकूपाचे कवन कशें जालें? 1
33. लेखकाच्या मतान 'श्रुती आनी स्मृती' म्हळयार कितें? 1
34. अक्षर साहित्य म्हळयार कितें? 1
35. उतान्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. रामा/ सीमा शिरोडकर, घर नं.५२० , गांवकारवाडो, होंडा सत्तरी गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात. 5

| गरज आसा |
| --- |
| कराटे प्रशिक्षक (ट्रेनर)<br>शिक्षणीक पात्रतायः बारावी पास<br>कराटे प्रशिक्षकाचो दाखलो<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः वेवस्थापक<br>सेंट जॉन हाय स्कूल<br>साखळी गोंय. |

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

. खेळ आनी भलायकी
. म्हज्या सपनातलें गोंय
. हांव खेळांमंत्री आशिल्लो जाल्यार
. पुस्तकाची आपजीण

*****************